# राष्ट्रीय पत्रकारिता दीस कार्यक्रम

ता. 15 नोव्हेंबर 2024

भारतीय पत्रकारिता मंडळाच्या स्थापनेच्या उगडासाक प्रत्येक वर्सा राष्ट्रीय पत्रकारिता दीस मनयतात. राष्ट्रीय पत्रकारिता दिसानिमतान 16 नोव्हेंबर 2024 दिसा सकाळी 9.30 वरांचेर म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यान गोंय संपादक मंडळ, गोंय पत्रकांर संघ, गोंय फोटो पत्रकांर संघटना, इलेक्ट्रॉनिक माध्यम पत्रकांर संघटना, खेळां पत्रकांर संघटना आनी दक्षीण गोंय पत्रकांर संघटनेच्या जोड पालवान पणजे इन्स्टिट्यूट मिनेझिस ब्रागांझा सभाघरांत राष्ट्रीय पत्रकारिता दीस कार्यावळीचे आयोजन केला. येरादारी मंत्री श्री. मॉविन गुदिन्हो हे कार्यक्रमाक मुखेल सोयरे म्हूण उपस्थित रावतले.

"Maintaining of Ethics and Accountability in Reporting " ह्या विशयाचेर चर्चासत्र जातलें. तातूंत नामनेचे पत्रकार एलिस्टर मिरांडा, प्रसाद म्हांब्रे, न्युवटन सिक्वेरा आनी डॉ. ओलाव आल्बुकर्क वाटो घेतले. ग्लेन कॉस्ता हे सत्राचे मॉडरेटर आसतले.

ह्या वेळार पत्रकारितेंतल्या योगदानाखातीर ज्येश्ठ पत्रकार श्री. आर. व्ही. प्रभुगांवकार हांका जीणेगौरव पुरस्कार भेटयतले.

तशेंच ज्येश्ठ पत्रकार एलेक्झेंडर मोनिझ बार्बोझा, रामनाथ पै रायकार, सुशांत कुंकळ्येकर, प्रदीप पाटील आनी यशवंत पाटील हांचो पत्रकारितेंतल्या योगदानाखातीर सत्कार करपात येतलो.

तशेंच फोटो सर्तीच्या जैतवंतांक इनामां भेटोवपात येतली.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/647

--
------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.